*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**मदले सुटयेतले खाण तयार करपी बायलांखातीर प्रशिक्षण कार्यावळ जाली**

ता. 2 डिसेंबर 2019

शिक्षण विभागान मदले सुटयेतले खाण रांदपी आप मजत गट आनी महिला मंडळांच्या बायलां खातीर हालीच प्रशिक्षण तथा मार्गदर्शन कार्यावळ आयोजीत केल्ली. शिजयल्ले अन्न हाताळप आनी वाडप, स्वताची नितळसाण, थळाव्या मोसमी भाज्यांचो वापर, पोरसू लागवड, पुश्टीक अन्न शिजोवपाची पद्दत अशें कार्यावळीचे विशय आशिल्ले.

श्रीमती वर्षा भिडे हांणी नितळसाण, अन्न सुरक्षा आनी अन्न हाताळणी विशीं मार्गदर्शन केले. श्रीमती मानसी कुडचडकर हांणी पुश्टीक अन्न रांदपाची पद्दत, थळाव्या मोसमी भाज्यांचो वापर, पोरसू लागवड अशां विशयांचेर मार्गदर्शन केले. श्री. विजेंद्र नाईक हांणी प्रशिक्षण कार्यावळीत तांत्रिकी मदत केली.

प्रशिक्षण कार्यावळीत सहभागी जाल्ल्या बायलांक एप्रॉन्स, तकलेक बांदपाचे कपडे, हातांचे ग्लोवज वितरीत केले.

पालवी शिक्षण संचालक श्रीमती मारीया डिसौझा हांणी भलायकी आनी नितळसाणीचे म्हत्व पटोवन दिले. वेवसायिक शिक्षण अधिकारी श्री. जयवंत नाईक हांणी मदल्या सुटयेतल्या खाणाचो दर्जो राखपाची गरज उकतायली आनी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/821

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA